
**मान्याचें पान**



**डॉ. पुष्पा पै**

# जिंदगीनामा.... एक जिवो रूख




**ही** एक कादंबरी. एका गांवाचो, ताच्या समाजाचो आनी संस्कृतायेचो इतिहास सांगपी कादंबरी. जगपाचे आसक्तीर जीव हुंवाळून उडोवपी मनशांची काणी. खरी तर ही हिंदी भाशेची कादंबरी पूण तातूंत पंजाबी आनी उर्दू, तीय बी स्थानिक पंजाबी आनी उर्दू भरपूर आसा. कृष्णा सोबतीचे लेखणेची तांक अशी कीं ती तिची एक आगळीच शैली (मुहावरे) घडयता. सबंद कादंबरी जिणेचें तत्वगिन्यान (फिलोसोफी) मांडटा. भायल्यान येवपी सैन्यांचीं वावटळां मोडून आनंदान, उमेदीन जगपी लोकांची देख दिता आनी तें समर्थपणान सांगपाक ती भाशेचो स्वताचोच एक इडिअम रचता.

कादंबरीची सुरुवात गुरु गोविंद सिंहाच्या एका दोह्यान जाता. त्या दोह्यांत अशें म्हणलां कीं जेन्ना सोसपाची सीमा सोंपता तेन्ना तलवारी भायर काडप अटळ जाता. शिवाय कादंबरीक दोन प्राकथनां (प्रोलोग) आसात. पयलें इतिहास सांगप जातलें हें सुचयता. ऐतिहासिक खात्यांनी मांडिल्लो आसा तो न्ही. पूण हो इतिहास लोक जिणेंत आसा, जनमानसांत भरून आसा. आनी दुसरेंत एक दीर्घ कविता आसा जी संक्षिप्तान कादंबरीचो विशय मांडटा. आनी फुडें कादंबरींत विस्तारान त्या गांवची कथा येता.

हे कादंबरीन साहित्य अकादमी पुरस्कार जोडला.

असले हे कादंबरीचो अणकार करपाचें धाडस करून जयंतीबाय नायक हाणीं व्हडलें कौतुकाचें काम केलां. आनी जसजशी हांव ती अणकारिल्ली कादंबरी वाचत गेलें, तिच्या कर्तुबाचें अप्रूप दिसत गेलें. ती वाचतना बरोवप्याचें कौतूक करप काय अणकारप्याचें अशें जालें. पूण कशें आसा, बरोवपी inspirationच्या प्रभावाखाला बरयता, अणकारप्याक तें वयल्यान पांगुरचें पडटा. त्या लिखाणांत भितर सरून समजून येवन मागिरूच अणकारपाक हात घालूंक मेळटा. अणकार म्हणजे एकेभाशेंत सांगिल्लो आशय दुसरे भाशेंत सांगप. वयर सांगिल्ल्या प्रमाणे ही भाशा जरी हिंदी आसली तरी तातूंत पंजाबी आनी उर्दू भास, तीय स्थानिक पंजाबी आनी उर्दू आसा. वयल्यान कृश्णा सोबतीन बरयिल्ली. ती समजून उमजून येवन तातूंतल्यान व्यक्त जाल्लो आशय कोंकणींत मांडप हीच व्हडली तारेवयली कसरत. जिंदगीनामाचो सगळो सूर काव्यात्मक. भरपुरशीं लोकगीतां, कवनां. तांचो अर्थ सांबाळटना तांचो छंद (मीटर), लय हें सगळें ध्यानांत येवन अणकारप कितलें कठीण आसता तें अणकार करपी मनशाक appreciate जातलें. हें सगळें जयंतीबायेन समर्थपणान करून दाखयलां.

अणकारांत एक मूळ संहिता (text) आसता. तातूंत एक विशय मांडिल्लो आसता. तिचो आशय (content, meaning, अर्थ) आसता. तें सांगपाक एक भास आसता. अणकारपी ती मूळ संहिता नव्यानी अणकारीत भाशेचे मदतीन लोकांफुडें दवरता. हाचो अनभव आमकां कादंबरीच्या नांवांतूच पळोवंक मेळटा. जिंदगीनामा हें हिंदी भाशेंतलें नांव जाचो अर्थ आसा आयुश्याची काणी पूण कोंकणींत नांव दितना जयंती बायेन ती जीण कशेतरेची हो अर्थ फुडाराक घेतला तो जिव्या, तट्टटीत, उमेदी, जिवंत काळजाच्या धाडसी लोकांचो जिवो रूख आसा. दोनी भाशांची प्रकृती वेगळी आसा. त्या लोकांचे जिणेचो रसरशीतपणा आनी आक्रमक वृत्ती तांच्या भाशेंतूय दिसून येता. कादंबरीच्या पात्रांच्या नांवांतूच पळोवंक येता जशे वड्डेलाल, गण्डासिंग, हरबंसा, डोड्डो बोद्दो बी दाद्ल्यांचीं नांवां, बरकती, राबयां, सत्प्रभावी, हाकमा बी हीं चलयांचीं नांवां. मुळाव्या भाशेची सुन्दरताय कोंकणीतूय आमकां दिसता. तरी लेखिकेच्या भाशेचे सुंदरतायेचो अंदाज कोंकणी वाचतना लक्षांत येता (देखीक: सुर्वेच्यो दोनी कविता बरोवपी आनी अणकारपी दोगांच्या लेखणीची तांक दाखयता). गायतां गायतां शाह्लीचो गळो भरून आयलो तिच्या काळजांतल्यान जणू खोल कुपां वयर सरिल्लीं. तिच्या दोळ्यांतल्यान पावसाच्यो झरी उमळूंक लागल्यो, मुखावयल्या पर्वतावेल्यान बर्फाळ हवा जणूं वतार्चे ताक चाळूंक लगिल्ली. सैमा देवतेच्या शक्तींचो दिश्टावो करून दिवपाखातीर देवान कितले तरी चमत्कार ह्या संवसारांत घडयल्यात. ताणें ह्या मळबाक उत्तुंग आनी विशाल केलां...... पोजड्यो गाळी घाल्यो ना जाल्यार तांचीं काळजां हुल्पतलीं कशीं आनी गोबोर